# PANAJI

## REGIONAL NEWS

### 30 Jan 2026,7.20pm

इंडिया एनर्जी वीक २०२६ चो आज समारोप जालो.  केंद्रीय पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी यांनी चौथ्या आवृत्तीचे वर्णन आश्वासक आणि प्रभावी अशे  केले. समारोप सुवाळयांत उलयतना केंद्रीय मंत्री पुरी हांणी सांगलें की, ह्या कार्यावळींत जागतीक सीईओचो व्हड वांटो आशिल्लो आनी आंतरराष्ट्रीय कंपन्यांनी खोल रुची दाखयली. वीज, गॅस आनी जहाजबांधणी क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती जाल्यात. नव्यो जागतीक कंपनींक  भारतीय कंपनीं कडे सहकार्य करपाची उमेद आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. भारत उर्जा सप्तक संवसारांतलें दुसरी व्हड उर्जा माची म्हणून पयलींच उदेलां आनी हरित हायड्रोजन, संकुचित बायोगॅस, ल्हान मॉड्यूलर रिॲक्टर्स आनी हेर उदेते  तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या जायत्या क्षेत्रांचो व्यापक आस्पाव आशिल्ल्यान

भाजपाचे नवे राश्टीय अध्यक्ष नितीन नबीन आयज आनी फाल्या अशे दोन दीस गोंय भेटीचेर आसात.आयज सकाळी ते गोंयात पावले ंह्यावेळर तांका पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी भाजपाच्या कार्यकर्त्यासियत पेडणे मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, मोपा येवकार दीलो.ते उपरांत पणजे भाजप मुख्यालयात तांका भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक आनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तशेंच मंत्री आनु आमदिर आनी भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी येवकार दीलो. आयज अनी फाल्याातांच्यो उत्तर आनी दक्षिण गोंयात पक्ष पांवड्यावेल्यो कार्यावळी आसात .जाल्यार फाल्या ताळगांव कम्युनिटी हाॅलात कार्यकर्ता सन्मेलनात नितीन नबीन भाजपाच्या कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतले.भाजपा राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय जनता पक्ष 2027 वर्सा गोंय विधानसभा वेंचणूक जिखून 2029 वर्सा राष्ट्रीय पांवड्यार परतून सत्तेर येतलो असो विस्वास मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उच्चायला.भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन पक्षाक मार्गदर्शन (मार्गदर्शन) दिल्ल्यान फुडाऱ्यांक फुडल्या दिसांनी एकठांय काम करपाक मेळटलें अशें गोंय भाजपाचे अध्यक्ष दामू नायक हांणी कोर समितीचे बसके उपरांत सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी पणजेच्या आदर्श करिअर केंद्रा खाला आयुक्त कामगार आनी रोजगार विनिमय कार्यालयान आयोजीत केल्ल्या 2 दिसांच्या "कॅरियर कॉन्क्लेवाचे उक्तावण डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियम, ताळगांव हांगा केलें.हो करिअर कॉन्क्लेव्ह गोंय सरकाराचो पयलोच उपक्रम आसा, जंय नामनेचे वक्ते, तरणाटे आयकॉन, कॉर्पोरेट फुडारी, प्रेरणादायी प्रशिक्षक, आनी सरकाराचे प्रतिनिधी एकाच मंचाचेर एकठांय येवन विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतले आनी करिअर उदरगत, उद्देजकता, फुडारपण आनी वैयक्तीक वाड हांचे संबंदीत प्रस्नांच्या विस्तृत वर्णपटाचेर विचार करतले. तज्ञ मार्गदर्शन, प्रेरणादायी इनपुट, आनी संरचीत करिअर जागृताय मेळोवन गोंयच्या तरणाट्यां खातीर एक जिवंत आनी प्रेरणादायक वातावरण तयार करप हो करिअर कॉन्क्लेवाचो मुखेल हेतू आसा. ह्यावेळार कामगार आनी रोजगार मंत्री आतानासिओ मोन्सेरात, कामगार आनी रोजगार खात्याचे आयुक्त सह सचीव, संदीप जॅकीस, कामगार आनी रोजगार आयुक्त राजेश अजगांवकारय हाजीर आशिल्ले.

मख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार, जिल्हाधिकारी अंकित यादव, के. आर. चौरासिया, गोंय, दमण आनी दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष रोहिदास देसाय आनी हेर मानेस्तांनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली. पुलीस पंगडान शस्त्र सलामी दिली आनी पुलीस बॅण्ड पंगडान लास्ट पोस्टची धुन वाजयली. बाल भवनाच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.

महात्मा गांधी हांच्या उगडासाक 30 जानेवारी हो हुतात्मा दीस म्हूण पाळपात येता. 30 जानेवारी 1948 वर्सा महात्मा गांधीजींची हत्त्या जाल्ली. स्वातंत्र्य सैनिक, सरकारी सचीव आनी अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

राज्य कर्मचारी भरती आयोगान कोंकणी शाळांनी 38 जाल्यार मराठी मुळाव्या शाळांनी 352 पदां भरपा खातीर  जायरात दिल्या. पात्र आनी इत्सून उमेदवारांनी ऑनलायन स्वरूपांत 20 फेब्रुवारी 2026 मेरेन अर्ज करप गरजेचें आसा. अर्ज https://gssc.goa.gov.in हे वेबसायटीचेर भरून सादर करप गरजेचें आसा. कोंकणी शिक्षकांच्या 38 पदां मदलीं 19 पदां सर्वसामान्यां खातीर आसात. ओबीसी खातीर १५ तर ४ पदां इडब्ल्यूएस खातीर राखीव आसात. ३८ पदां मदल्या ८ पदां दिव्यांगां खातीर राखीव आसात. मराठी शिक्षकांच्या 352 पदां मदलीं 158 पदां सर्वसामान्यां खातीर (यूआर) आसात. उरिल्लीं पदां एसटी ४२, एससी ४, ओबीसी ११३, इडब्लूएस ३५ अशीं राखीव आसात. तशेंच ३५२ पदां मदलीं १६ पदां दिव्यांगां खातीर, ७ पदां एक्स सर्वीसमेन जाल्यार ८ पदां खेळगड्यां राखीर राखीव आसात.उमेदवारांची निवड सीबीटी परीक्षेंतल्या गुणां प्रमाण जातली. पयल्या आनी दुसऱ्या अशा दोनूय सीबीटी परीक्षांचो अभ्यासक्रम जायराती सयत वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

गोंय वैजकीय महाविद्यालयांतल्या ओपीडीं सेवा खातीर 4 फेब्रुवारी 2026 सावन ऑनलायन अपॉन्टमेंट बुकिंग सुरू करतले. जनरल मेडिसीन, जनरल सर्जरी, ईएनटी, ऑर्थोपेडिक आनी डर्मेटोलॉजी (स्किन) ह्या ओपीडी खातीर दरेकी 100 ओपीडी स्लॉट  प्रायोगिक तत्वाचेर ऑनलायन बुकिंग आसतले. लोकांनीhttps://www.gmcgoa.edu.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवन ऑनलायन ओपीडी बुकिंग सेवेचो लाव घेवचो.दुयेंतीन मोबायल आदारीत ओटीपी पद्दती वरवीं नोंदणी करतना आभा कार्ड वा डीडीएसएसवाय कार्ड असो मुळावो तपशील भरपाक जाय. नवीन दुयेंतींक ऑनलायन अपॉन्टमेंट बुकिंग करपा खातीर एकवेळ 100/- रूपया (भारतीय नागरीक) आनी 250/- (विदेशी नागरीक) फारीक करचे पडटले आनी ही नोंदणी दोन वर्सां ग्राह्य आसतली. अपॉन्टमेंट बुकिंग यशस्वी जाल्या उपरांत स्लिप तयार जातली,  जी संबंदीत ओपीडीत दाखोवची पडटली. बुक केल्ल्या स्लॉटाच्या अर्दवर पयली दुयेंतीन ओपीडीत हजर रावपाक जाय. ह्या सेवेच्या प्रक्रियेविशीं तपशीलवार म्हायती https://www.youtube.com/watch?v=UIANtHuOngw  ह्या लिंकाचेर उपलब्ध आसा. कसलीय अडचण आसल्यार लोकांनी मेडिकल रिकॉर्ड विभाग, ओपीडी क्र. 15, पयलो माळो, ओपीडी ब्लाक, गोंय वैजकीय महाविद्यालय हांगा संपर्क करचो.

घुंवळे वखदांच्या गैरवापरा आड जागरूकताय करपा खातीर आनी  निरोगी, सकारात्मक जीणेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर समाज कल्याण संचालनालयान रील मेकिंग सर्तीत सहभागी जावपाक आमंत्रण दिला.  भारत सरकारच्या सामाजिक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालयान तयार आनी अंमलबाजावणी केल्ल्या घुंवळे वखदांची मागणी कमी करपा खातीर राष्ट्रीय कृती आराखडो (NAPDDR) ह्या केंद्रीय येनजणे अंतर्गत ही सर्त आयोजीत केल्या."घुंवळे वखदांक ना म्हणात" ह्या विशयाचेर रील मेकिंग सर्त दोन गटांत आयोजीत केल्या- विद्यार्थी गट आनी  सामान्य नागरीक गट अशा दोन गटांत आयोजीत केल्या.

रीलाची कालमर्यादा  कमीत कमी 60 सेकंद आनी चडात चड 90 सेकंद आसपाक जाय. रील Instagram चेर @socialwelfare.goa, @yuva.panaji हाचेकडेन जोडिल्ले आसपाक जाय. रीलांत कसलोय स्पश्ट, अपमानास्पद, हिंसक वा अयोग्य कंटेंट वापरपाक परवानगी आसची ना. रील मूळचें आसापक जाय. कसलोय दुसऱ्या पसून तयार केल्लो वा कॉपी केल्लो कंटेंट अपात्र थारायतले. रील इंग्लिश, हिंदी, कोकणी वा मराठीत आसपाक जाता. सबटायटल्सांक प्रोत्साहन आसतले.  50 टक्के सर्जनशीलताय आनी  50 टक्के कंटेंट आनी  मेसेज स्पश्टता हे निर्णायक निकश आसतले. लाइक्स, व्ह्यूज वा रीच विचारात घेवचे ना. रीलात कसल्याय  स्वरूपात ड्रग्जचो प्रचार वा व्हडवीक आसपाक जायना.रील अपलोड करपाची निमाणी तारीख 8 फेब्रुवारी 2026 आसा.

25 वें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन शेनवार ता. 31 जानेवारी आनी आयतार ता. 01 फेब्रुवारी 2026 अशें दोन दीस पी.एम.श्री. सर्गेस्त हिरोजीराव बाबूराव देसाई सरकारी माध्यमीक विद्यालय, ठाणे, सत्तरी हांगा जातले.

गोवा कोंकणी अकादेमी आनी साहित्यमंथन सत्तरी

हांच्या जोडपालवान हें संमेलन आयोजीत जाता.

फाल्या सकाळी णव वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाजीर रावतले. आमदार डॉ. देविया राणे , कन्नड साहित्यीक जयंत कायकिणी , युवा संमेलन अध्यक्ष डॉ. हेमंत अय्या तशेंच थळावो सरपंच विनायक गांवस हाजीर रावतले.